Panajei National 22nd December 2025 8.40am

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी शांति विधेयकाक मंजुरी दिल्या.
- जी राम जी विधेयक 2025क राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मंजुरी दिली.
- महाराष्ट्रांत भाजप, शिवसेना आनी राष्ट्रवादी काँग्रेसच्या महायुतीन नगरपालिका आनी नगरपंचायतींच्या वेंचणुकांनी घसघशीत जैत मेळयलें.
- अरुणाचल प्रदेशांतल्या थळाव्या संस्थांच्या वेंचणुकेंत सत्ताधारी भारतीय जनता पक्षाक व्हड जैत मेळ्ळां.
- अरावली पर्वतरांगांच्या पर्यावरणाक तात्काळ कसलोच धोको ना अशें सरकारान सांगलां.
- बायलांच्या क्रिकेटांत विशाखापत्तनमांत काल जाल्ले टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक आठ विकेटींनी हारयलो.

Prez

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी संसदेच्या शिंयाळी अधिवेशनांत संमत जाल्ल्या शाश्वत अणुऊर्जा वापर आनी विकास, भारत परिवर्तन विधेयक, 2025 - शांति विधेयकाक मंजुरी दिल्या. ह्या विधेयकांत नागरी अणु क्षेत्राकडेन संबंदीत आशिल्ले सगळे कायदे एकठांय केल्यात आनी खाजगी क्षेत्राक ह्या क्षेत्रांत वांटो घेवपाची तजवीज केल्या. हे विधेयक अणुऊर्जा कायदो, १९६२ आणि नागरी अणु नुकसान दायित्व कायडॉ, २०१० रद्द करता, जे भारतांतल्या नागरी अणु क्षेत्राचे वाडीक आडमेळींचे थारिल्ले.

Prez

विकसित भारत रोजगार हमी आनी आजीविका अभियान ग्रामीण, म्हणजे जी राम जी विधेयक 2025क राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मंजुरी दिली. संसदेन हे विधेयक हालींच सोंपिल्ल्या शियाळी अधिवेशना वेळार मंजूर केल्ले. हो कायदो विकसित भारत @ २०४७ च्या राष्ट्रीय दृष्टिकोना कडेन सुसंगत अशी ग्रामीण विकासाची चौकट स्थापित करपाचो प्रयत्न करता. ह्या कायद्या खाला, ज्या कुटुंबातलो प्रौढ सदस्य अकुशल शारीरिक काम करपाक तयार आसा, अशा प्रत्येक ग्रामीण कुटुंबाक प्रत्येक आर्थिक वर्सांत किमान 125 दिसांच्या मजुरीअंतर्गतच्या रोजगाराची वैधानिक हमी दिल्या.

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी हो कायदो मनरेगाचे फुडलें पावल अशें म्हणलां. हे खातीर एक लाख 51 हजार कोटी रुपयां परस चड निधी प्रस्तावीत केल्ल्याची म्हायती मंत्र्यांनी व्हिडियो संदेशांत दिली.

Maharashtra

भाजप, शिवसेना आनी राष्ट्रवादी काँग्रेसच्या महायुतीन २८८ नगरपालिका आणि नगरपंचायतींच्या वेंचणुकांनी स्थानिक स्वराज्य संस्थांच्या अध्यक्षांच्यो २०७ सुवातो जिंकून घसघशीत जैत मेळयलें. विरोधी महाविकास आघाडीक फक्त ४४ जाग्यांचेर समाधान मानचे पडले. राज्य वेंचणूक आयोगाच्या म्हणण्या प्रमाण भाजपान 117 नगराध्यक्ष पदा, शिवसेनेन 53, आनी राष्ट्रवादीन ३७ सुवातो जिंकल्या. काँग्रेसीन 28, राष्ट्रवादी काँग्रेस (सपा)न 7 आनी शिवसेना (UBT)न 9 सुवातो जिंकल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, भाजप अध्यक्ष जे पी नड्डा आनी भाजपाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नवीन हाणी नगरपालिका आनी नगर पंचायत वेंचणुकेंत भाजपा आनी महायुतीच्या जैता खातीर महाराष्ट्रांतल्या लोकांचे उपकार मानल्यात.

AP

अरुणाचल प्रदेशांतल्या थळाव्या संस्थांच्या वेंचणुकेंत सत्ताधारी भारतीय जनता पक्षाक व्हड जैत मेळ्ळां. १५ डिसेंबराक जाल्ल्या ह्या वेंचणुकेंत भाजपान जिल्हा परिषद आणि ग्रामपंचायतांनि चडश्यो सुवातो जिंकल्या. इटानगर महानगरपालिकेच्या वेंचणुकेंतय भाजपान २० पैकी १४ प्रभाग जिंकत निर्णायक जैत मेळयलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी थळाव्या संस्थांचे वेंचणुकेंत भाजपान केल्ल्या प्रभावी कामगिरीची तोखणाय केली.

Railway

रेल्वेने ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखे सावन भाडे संरचनेचे तर्कसंगतीकरण केला. सुधारित संरचने प्रमाण, साध्या वर्गात 215 किलोमीटरपर्यंतच्या प्रवासा खातीर भाडेवाढ जावची ना. 215 किलोमीटर पर्स चड प्रवासाखातीर साध्या वर्गात प्रति किलोमीटर 1 पैशे भाडेवाढ जातली, तर मेल आनी एक्सप्रेस गाड्यांच्या नॉन-एसी वर्गात प्रति किलोमीटर 2 पैसे भाडेवाढ केल्या. एसी वर्गातुय रेल्वेन प्रति किलोमीटर 2 पैसे भाडेवाढ केल्या. तशेंच, उपनगरीय प्रवास आनी मासिक सीझन तिकीटांच्या भाड्यात कसलीच वाड करूंक ना, अशेंय रेल्वेन स्पष्ट केला. रेल्वेच्या म्हणण्या प्रमाण भाडें वाडीक लागून सुमार 600 कोटी अतिरिक्त येणावळ मेळटली.

Aravali – 135

अरावली पर्वतरांगांच्या पर्यावरणाक तात्काळ कसलोच धोको ना अशें सरकारान सांगलां. पर्यावरण, वन आणि हवामान बदल मंत्रालयान प्रसिद्धीपत्रकात सांगला, सुरू आशिल्ली वनीकरण मोहीम, पर्यावरण-संवेदनशील क्षेत्रांची अधिसूचना तसेच खणकाम आनी शारी उपक्रमांचेर कडक देखरेख हाका लागून अरावली देशाखातीर नैसर्गिक दायज आणि पर्यावरणीय संरक्षण कवच म्हणून काम करत रावतली हाजी खात्री आसा.

सर्वोच्च न्यायालयाच्या शंबर मीटराच्या निकालाचो चुकीचो अर्थ लायतात अशें केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी सांगलां. पत्रकार परिशदेंत उलयतना तांणी नागरिकांक अरावली संबंदी चुकीची म्हायती पातळावप बंद करचें असो उलो मारला. अरावलीचो वट्ट क्षेत्रफळ 1 लाख 47

हजार चौखण किलोमीटर आसा आनी फकत 0.19 टक्के वाठारांत खणकाम करपाक मेळटा अशें मंत्र्यांनी सांगलें.
सर्वोच्च न्यायालयाच्या निकाला प्रमाण अरावली वाठाराचो 90 टक्के वाठार संरक्षित वाठारा खाला येता आनी हे संबंदी कसलीच सुट दिवंक ना अशें यादव हांणी सांगलें. दिल्ली, अरावली पर्वतरांग दिल्ली, हरियाणा, राजस्थान, गुजरात ह्या चार राज्यांनी पातळ्ळ्या.
Kolkata
रेल्वे अपघाताक लागून हत्तींच्या मृत्यूचे प्रमाण उणें करपा खातीर रान आनी पर्यावरण मंत्रालय जायतीं पावलां उबारतलें. अपघात प्रवण आशिल्ल्या वाठारांची वळख करून घेवपाचे निर्देश मंत्रालयान रेल्वेक दिल्यात.
अस्तंत बंगालांतल्या दक्षिण 24-पर्गना जिल्ह्यांतल्या सुंदरबन वाठारांतल्या गोडवात काल प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना रान आनी पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी ही म्हायती दिली. संबंदीत वाठारांतल्या जिल्लो दंडाधिकाऱ्यांक आनी पुलीस अधीक्षकांकय व्हॉट्सॲप ग्रुप तयार करून परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरपाचे निर्देश दिल्यात अशें तांणी सांगलें.
EV
उद्देजकताय, रोजगार आनी उदरनिर्वाह हांचे खातीर इलेक्ट्रीक मोबिलिटी एक बळिश्ट इंजिन म्हणून उदेता अशें केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंग हाणी सांगले. ते काल नवी दिल्लीत इलेक्ट्रिक वाहन (EV) प्रदर्शनाच्या भेटी वेळार माध्यमांकडेन उलयताले.
Hyderabad
राज्यांत जेन्ना खाशेली सघन सुदारणा (एसआयआर) जातली तेन्ना ती यशस्वी करची असो उलो मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी काल तेलंगाच्या बूथ पातळेवेळा अधिकाऱ्यांक मारला. काल सांजवेळार हैदराबादांत ह्या अधिकाऱ्यां कडेन संवाद सादतना मुखेल वेंचणूक आयुक्तान तांच्या सेवेची तोखणाय केली.
Petroleum
हालींच अधिसुचीत केल्ले पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू नेम 2025 हें भारतांतल्या देशांतर्गत हायड्रोकार्बन उत्पादनाक चालना दिवपाखातीर म्हत्वाचें पावल अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर एक बातमी शेअर करताना केंद्रीय मंत्र्यान नवे नेम भारताची ऊर्जा सुरक्षा साध्य करपाखातीर चालना दितात अशें सांगलें.
IMD
भारतीय हवामान खात्यान आज उदेंत उत्तर प्रदेश आनी बिहारात सामके दाट धुक्याचो orange अलर्ट जारी केला. जाल्यार बिहार, छत्तीसगढ़, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, मध्य प्रदेश, ओडिशा, उत्तराखंडत काय सुवातींनी दाट धुकें पातळटलें. आज कर्नाटक, तेलंगणा, बिहार, उत्तर प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी पंजाबांत कुडकुडयाचे शि पडपाचो अदमास आसा.
Cricket
बायलांच्या क्रिकेटांत विशाखापत्तनमांत जाल्ले पांच मॅचींचे माळेच्या सुरवातीच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक आठ विकेटींनी हारयलो. पांच मॅचींचे माळेंत भारतान 1-

0 अशी आघाडी घेतल्या. श्रीलंकेन दिल्ली 122 धांवड्यांची मोख भारतान 14.4 ओव्हरींनी पुराय केली.

भारता खातीर जेमिमा रॉड्रिगीसान 44 बॉलांचेर नाबाद 69 धांवड्यो केल्यो. ताका Player of the Match हो पुरस्कार फावो जालो. श्रीलंके खातीर काव्या कविंदी आनी इनोका रणवीरा हांणी दरेकीं एक विकेट घेतली.

ताचे आदीं भारतीय महिला पंगडान कुरुबावलो जिखून पयली गोलंदाजी करपाचें निवडलें. पयली फलंदाजी करून श्रीलंकेन निर्धारित २० षटकांत ६ गडी बाद 121 धांवड्यो केल्यो.कर्णधार हरमनप्रीत कौर हाच्या फुडारपणा खाला भारतीय पंगड बायलांच्या टी-20 विश्वचषकाचे तयारेचो एक भाग म्हूण श्रीलंके आड पांच टी-20 मॅची खेळटा. ह्या माळेतली फुडली मॅच मंगळारा त्याच सुवातेर जातली जाल्यार निमाणी तीन मॅची तिरुवनंतपुरमांत जातल्यो.